**अखील गोंय आंतरशालेय तियात्र सर्त 2025**

ता. 1 जुलय 2025

गोंय तियात्र अकादमीन रवींद्र भवन, वास्को हांच्या सहकार्यान 4 ते 12 जुलय 2025 मेरेन रवींद्र भवन, वास्को हांगा तिसऱ्या अखील गोंय आंतरशालेय तियात्र सर्त 2025 चे आयोजन केला. 4 जुलय 2025 दिसा दनपारां 3.15 वराचेर सर्तीचें उक्तावण जातले. येरादारी मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो आनी हेर मानेस्त उक्तावणाच्या कार्यावळीक उपस्थित रावतले.

ता. 4 जुलय दिसा रोझरी हायस्कूल, कुजिरा- बांबोळी हांचे वतीन "काळीज रडटा" तियात्र सादर करपात येतलो. ता. 5 जुलय दिसा अवर लेडी ऑफ द रोझरी हायस्कूल, दोनापावला हांचे वतीन " IQ Nhoi, EQ Zai " तियात्र सादर करपात येतलो. ता. 7 जुलय दिसा विद्या विहार हायस्कुल, ठाणा कुठ्ठाळी हांचे वतीन "सुख म्हणजे किल्ये", ता. 8 जुलय दिसा सेंट झेव्हियर हायस्कुल वेळ्ळी हांचे वतीन "कोविड", ता. 9 जुलय दिसा अवर लेडी ऑफ कार्मेल हायस्कूल, कुडतरी हांचे वतीन " Vell " आनी ता. 12 जुलय दिसा सेंट रॉक हायस्कूल, तळेकांटो वेळ्ळी हांचे वतीन अवर लेडी ऑफ कार्मेल हायस्कूल, कुडतरी हांचे वतीन " A.I." तियात्र सादर करपात येतलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/572

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.